Panaji

प्रादेशिक खबरो

१४.०५.२०२६ @ ७.२० pm

- स्टार्ट सुरु करपाखातीर आणि हेर मळार लेगीत बायलां स्टार्ट अप येवजणेचो लाव घेंवन वेवसाय करपाक शकता अशेमुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला
- केंद्र सरकारान चालीक लायिल्ली one district one product येवजण गोंयातं कमी जिल्हे आशिल्लया कारणान एक तालुका एक प्रोजक्ट करपाची मोख सरकारान दवरल्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी बँकाच्या जाळवणदारांकडे 133 वि राज्य पावड्यवेली खासा बसका घेतली
- केंद्र सरकारान चालीक लायिल्ली प्रधानमंत्री मुद्रा येवजण तशेंच stand up yojana, start up yojnaक लेगीत सराकरा कडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा

Start up वेवसाय सुरु करपाक गोंयात बायला मुखार आसात. ह्या येवजणेचो लाव घेवप्यामदी एक तृतीयांश भाग बायलां उद्देजकांचोच आशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या . स्टार्ट सुरु करपाखातीर आयटी उद्देजकुच आसपाक जाय हो गैरसमज जावन आसा. हेर मळार लेगीत बायलां स्टार्ट अप येवजणेचो लाव घेंवन वेवसाय करपाक शकता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. गोंय सरकारा बायलांक अर्थिक रित्या सक्षम करपाक तांणी तयार केल्या वस्तुक माची दिवपाक खासा सवलती दिता. गोंयच्या बयालांनी आपल्या उदद्देगांचो विस्तार करपाक ह्या येवजणएचो लाव घेवप गरजेचे आसा स्टार्ट अप वरवी उद्देग करपाक बायलाकं 10 लाख मेरेन रिण मेळटा. ताका लागुन बायलांनी अशा येवजणेचो लाव घेवन स्वतच्य वेवसायाक घटमुट ककरचे अशे आवाहन मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला.

केंद्र सरकारान चालीक लायिल्लो one district one product येवजणेवरवी गोंयांतुय सध्या काम नेटान सुरु आसा, मात गोंयातं कमी जिल्हे आशिल्लया कारणान एक जिल्हो एक प्रोडक्टापरस एक तालुका एक प्रोजक्ट करपाची मोख सरकारान दवरल्या अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयांक स्वयंपुर्ण करतना गोंयच्या बायलांक सक्षम करपाक, तांणी

तयार केल्लया वस्तुंक बाजारपेठ दिवपाक, तशेंच तांच्या उत्पादनांक मार्केटींग, पॅकेजिंग, ब्लेण्डींग कशे करप ताचे प्रशिक्षण सरकार अशा उद्देजक बायलांक दिता अशे मुखएलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. ते गोंय ग्राणीण उदरगत संस्था आनी निती आयोगाच्य जोडपालवान आयोजित केल्या women enterprenuership platform कार्यावळीत उलयताले.

ह्यावेळार मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी women enterprenuership chapter, हस्तकारागिरांखातीर खासा विक्री आनी उत्पादन माची, तशेंच खाजगी मळार उत्पादन करपी वेवसायिकाक ह्या women enterprenuership chapter वरवी लॉंच करपाची कार्यावळ जाली. स्वयंपूर्ण गोंय मोहीमेखाला दुद, भाजी, नुस्ते तशेच हेर गरजेच्या वस्तूंचे उत्पादन गोंयांत जावचें म्हूण तरेकवार कार्यावळी सुरू आसा. हे भायर स्टार्टअप धोरणा खाला बायलांक 10 लाखाचे अनुदान दिवपी येवजण आसा. बायलांनी पारंपरीक वेवसाय तशेच वस्तूंची निर्मिती करून वेवसायांन पावल घालचे, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.वूमेन एंट्रेप्रेनरशीप प्लॅटफॉर्मा खाला एके वर्साचो एजेंडा तयार केला, अशें संचालक एना रॉय हांणी सांगलें.

गोंय सरकारान अर्थीक नदरेन दुबळया सी- क्लास वर्गातल्या नगरपालिकांक कर्मचाऱ्यांचो पगार आनी पेन्शन दिवपा खातीर अर्थीक मजत दिवपाची नवी येवजण सुरू केल्या. “प्रशासन येवजण घटमूट करपा खातीर अर्थीक नदरेन दुबळया ‘सी’ वर्गाच्या नगरपालिक मंडळांक अर्थीक मजत दिवपी 2026” ही येवजण सरकारान रोखडीच चालीक लावपाचे थारायला. हे येवजणे खाला पात्र सी -क्लास पालिका मंडळांक कर्मचाऱ्यांच्या पगार दिवपाखातीर वर्सुकी 50 लाख रुपया मेरेन आनी निवृत्त कर्मचाऱ्यांक पेन्शन खातीर वर्सुकी 25 लाख रुपया मेरेन अनुदान दितले. हो निंधी दोन हप्त्यांनी दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ही येवजण पांच वर्सां खातीर आसतली .दुबळया सी क्लास काउन्सिलांक निधीच्या उणावाक लागून प्रशासकीय खर्च पुराय करपाक मेळना अशा अपवादात्मक प्रकरणांत सरकाराक अतिरिक्त निधी मंजूर करपाची तजवीज आसा. त्या नेमाप्रमाण सरकारान हो निर्णय घेतला.

राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रभावीपणान चालीक लागपा khatir सवी ते आठवी मेरेन वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर २०२६-२७ शिक्षणीक वर्सा सावन '१० स्कूलबॅग मुक्त दीस' उपक्रम चालीक लावचो अशे GSCERTन मांगला. गोंय राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाची संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी राज्यांतल्या सगल्या सरकारी, आनी अनुदानीत मान्यताय सरकारी मान्यताय मेळिल्ल्या माध्यमीक शाळांच्या मुख्याध्यापकांक हे संबंदी सुचोवणी जारी केल्या.

पर्यटन मळावेले जाळवणदारांची आयज पर्यटन मंत्र रोहन खंवटे हांच्या अध्यक्षतायेखाला पर्यटन भवनात बसका जाली. ह्या बसकेवेळार आखाती देशाच्या गेर्राचे गोंयच्या पर्यटनाचेंर जावपी परीणाम, इंधनाविंशी उप्रासिल्लया प्रस्नाचो पर्यटन मळार जावपी परीणाम ,तशेंच पर्यटन मळार येवपी आव्हानाविंशी चर्चा जाली अशी म्हायती रोहन खंवटे हांणी दिल्या. चार्टराची संख्या, एमपीटी क्रुझ टर्मिनल बेगोबेग सुरु करप, तशेंच देशा पर्यटकांक आर्कर्शित करपाच्या फांटभुयेरं 20 मेक खासा बसका पर्यटन खाते घेतले अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. पोरु मान्सुन पर्यटनाक बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. तशेचं ल्गना, परीशदो, जेन झी पर्यटन थंळ, तशेंच हेर बाबतीन गोंयांत जानेवारी ते एप्रिलमेरेन गोंयांक बरो पर्यटन म्हण प्रतिसाद मेळ्ळा. जाल्यार आता आखाती देशाच्या गेराक लागुन पावसाळयाच्या पर्यटनाचेंर आंतरराश्ट्रीय पर्यटक उणो येवपाची शक्यताय जावक शकता, मात देशी पर्यटनाक आर्कर्शित करपाक गोंय पर्यटन खात्यान खासा आराखडो तयार करपाचे काम सुरु केला अशी म्हायती तांणी दिल्या.ह्या बसकेत एअरलायन्स, ट्रेव्हलिंग, हॉटेल, शॅक,वोटर स्पोर्टस, तशेचं पर्यटन मळावेल्या हेर जाळवणदारांनी ह्या वाटो घेतिल्लो. आंतरराश्ट्रीय पर्यटन तंळ आशिल्लया गोंय राज्यात बऱ्या दर्जाचे पर्यटक येवचे म्हण गोंय पर्यटन खाते काम करता अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.

गोंयांतल्या बँकांनी शिक्षणीक संस्थांनी अर्थीक साक्षरते विशीं जागृताय निर्माण करची. बँकांनी पर्यटन, हरित उर्जा, सौरउर्जा प्रकल्प बसोवपाक, नुस्तेमारी, शेतकी मळाक, बायलांच्य वेगेवगळया वेवसायांक, क्षेत्रांक चड रीण दिवचें. खाजगी क्षेत्रांतल्या कामगारांक विमो आनी हेर सुविधा बँकांनी दिल्यार सरकार अर्थीक मजत दितलें अशे मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते पणजे 133 व्या राज्य पावड्येल्या बँकाच्या जाळवणदारांकडे घेतिल्लया खासा बसकेत उलयताले.

गोंयांत प्रधानमंत्री जीवन ज्योती सुरक्षा येवजणेचो 4 लाख 17 हजार 709 जाणानी नोदंणी केला, पोरु हो आकडो 3 लाख 66 हजार आशिल्लो, जाल्यार प्रधानमंत्री बीमा सुरशक्षा येवजणेचो लाव 10 लाख 498 वेल्यान आता 12 लाख जाला अशी म्हायती .प्रमोद सावंत मुखेलमंत्र्यान दिल्या. केंद्र सरकारान चालीक लायिल्ली प्रधानमंत्री मुद्रा येवजण तशेंच stand up yojana, start up yojna क लेगीत सराकरा कडल्यान बरो प्रतिसाद मेळटा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

संवसारभर झुजासारकी परिस्थिती आनी अर्थीक अस्थिरताय आसून लेगीत केंद्र सरकाराच्या प्रभावी नियोजनाक लागून भारतांतल्या सामान्य लोकांक कसलोच उणाव जावंक ना. अशें आसून लेगीत काँग्रेस आनी हेर विरोधी पक्ष ह्या विशयाचेर राजकारण करतात असो आरोप भाजपाचे राज्य प्रवक्ते यतीश नायक हांणी पणजेंत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत केला. रशिया-युक्रेन झुजाक लागून आनी अस्तंत आशियांतल्या तणावाक लागून संवसारीक पांवड्यार इंधनाचे दर वाडत आसात. पूण केंद्र आनी गोंय सरकारां मदल्या समन्वयाक लागून राज्यांत एलपीजी, पेट्रोल आनी डिझेलाची पुरवण अखंडपणान चालू आसा. आयज देश प्रगती करता तेन्ना हेच पक्ष फकत राजकारणा खातीर टिका करतात. 2014 वर्सा भारताची अर्थवेवस्था ‘फ्रेजिल 5’ म्हण्ल्यार नाजूक 5 वर्गांत पडटाली. पूण आयज भारत संवसारांतली तिसरी नेटान वाडपी अर्थवेवस्था जावपाचे वाटेर आसा अशे ताणी म्हणले .

आयपीएल क्रिकेटात, आज सांजे 7.30 क धरमशालात पंजाब किंग्स मुंबई इंडियन्सआड खेळतलो

हवामान खात्यान 15 आनी 16 मे क  गोंय राज्यांतल्या कांय सुवातींनी गडगडपा वांगडा उश्ण आनी दमट हवामानाचो  अदमास दिला .भारतीय हवामान केंद्रान 14 मे ते 20 मे 2026 ह्या काळांत जिल्ह्य प्रमाण हवामान अदमास आनी सल्लागार जारी केला.